14th March 2026 7.25am

नमस्कार आकाशवाणी पणजीच्या

सीएम गॅस

ऑनलायन पद्दतीन बूकींग केल्या उपरांत, २५ दिसांनी घरगुती एलपीजी गॅस सीलींडर गोंयकारांक मेळटलो, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलां. वेवसायिक सीलींडराचे वाटप २० टक्के जाल्यार, उद्देगीक वापराच्या सीलींडराचेर बंदी आसतली, अशें तांणी सांगलें.

लोकांनी सहकार्य केले जाल्यार, सगळ्याक एलपीजी सीलींडर उपलब्ध जातलें. जेंचे कडेन दोन, तीन कनेक्शना आसा, तांणी सीलींडरांचो साठो करून दवरचो न्ही, अशें आवाहन मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी केलां. इस्रायल - अमेरिका झुझाक लागून, हेर राज्यां प्रमाण गोंयांत लेगीत सध्या, एलपीजी गॅस सीलींडराचो उणाव आसा. हे फांटभुयेर मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी, शुक्रारा उचेल्या पावंड्यावेली बसका घेतली. हे बसकेक मुखेल सचिवां सयत, अधिकारी तशेच ऑयल कंपन्यांचे प्रतिनिधी हाजीर आशिल्ले. पयलीच्या कोट्याचो जो रेकॉर्ड आसा, ताचे २० टक्के वेवसायीक सीलींडरांचे वाटप जातलें. केंद्रा कडल्यान वेवसायीक एलपीजी वाटपाविशी, नव्यान निर्देश आयले उपरांत, ते प्रमाण कार्यवाय जातली. दरेकी म्हालात दर दिसा, नागरी पुरवण खात्याचे समन्वय अधिकारी एलपीजी सीलींडर साठ्याचो नियाळ घेतले. हाका लागून साठ्याच्या उपलब्धतेची म्हायती, सरकाराक मेळटली.

Self Defence

गोंयच्या यता 6 ते 12वी मेरेनच्या चलयाक, स्वरक्षणाच्या हेतन राणी लक्ष्मी बाई स्वरक्षण प्रशिक्षणा वरवी, स्वरक्षणाचे धडे दीतात, अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.

आमदार देविया राणे हांणी खाजगी थारावावेळार चलयांक स्वरक्षणाखातीर, अशे प्रशिक्षण मेळप गरजेचे, अशे म्हणला. तशेच हे प्रशिक्षण शैक्षणिक वर्साच्या तीन म्हयन्याबदला, सप्तकातले तीन दीस दीवचे, अशी मागणी ताणी केली. ह्यावेळार आमदार दोतोर चंद्रकांत शेट्य, प्रेमेंद्र शेट आनी आलेक्स रेजीनाल्ड लोरेन्स हांणी, प्रशिक्षित शिक्षकांनी स्वरक्षणाचे धडे दीवचे, अशे म्हणला.

मागण्यो मान्य -

विधानसभा अधिवेशनांत  काल शुक्रारा दनपार उपरांत, विरोधी पक्षांचो एकूय आमदार सभाघरांत नाशिल्ल्यान, चर्चा जाय नासतानाच तीन खात्यांच्या मागण्यांक सभाघरान मान्यताय दिली. भौशीक बांदकाम, बंदर कप्तान आनी वजन, माप खात्याच्या मागण्याक सभाघरान मान्यताय दिल्ल्याचें सभापती गणेश गांवकार हांणी जाहीर केलें. शुक्रारा प्रस्नोत्तरा वेळार शेती संरक्षण विधेयका विशीं विरोधकांनी स्थगन प्रस्ताव हाडलो. हो चर्चेक घेवपाक सभापतींनी न्हयकार दिल्ल्यान, विरोधी आमदारांनी निशेध केलो. हाका लागून सभाघराचें कामकाज तहकूब केलें. विरोधकांचे एकूय खासगी विधेयक चर्चेक घेवंक नाशिल्ल्या कारणान विरोधी आमदारांनी सभाघरांत बोवाळ केलो. उपरांत, सभाघराचें कामकाज परतून सुरू जालें.  मागण्या वेळार, एकूय विरोधी आमदार सभाघरांत नाशिल्लो. कपात सुचोवण्यो नाशिल्ल्यान, मागण्यांक सभाघरान मान्यताय दिल्ल्याचें सभापतीन जाहीर केलें.

महानगरपालिका वेंचणुके - ५५

पणजी महानगरपालिका वेंचणुकेची  मतमेजणी काल जाली. मंत्री अतानासिओ  मोन्सरात हांच्या फुडारपणा खाला, भाजपाच्या आदारान तांच्या पॅनेलान पणजी महानगरपालिका वैचणुकेत, 30 वॉर्डातले 27 वॉर्ड जिखून निर्णायक जैत मेळयलें. जाल्यार, उत्पल पर्रीकर समर्थक 'आमी पणजेकार' पॅनलाचे 3 उमेदवार जैतिवंत जाले. पणजी महानगरपालिकेच्या 30 प्रभागांखातीर वेचणुक जाल्ली.

AI धोरण

गोंयांत 100 दिसां भितर AI धोरण सुरू करतले, अशी म्हायती म्हायती तंत्रगिन्यिन मंत्री रोहन खंवटे हांणी दील्या.

खेळ ४५

आर्लेम क्रिकेट मैदानाचेर चालू आशिल्ले, सर-सांगण प्रायोरिटी सुपर सिरीज क्रिकेट 2026 सर्तीच्या चवथ्या दिसा, सारस्वत टायगर्स आनी सी.डी फाउंटन  हेड्स ह्या पंगडांनी जैत जोडलें.

वेदर

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण, राज्यात चडान चड तापमान 34.4 अंश सेल्सियस आणि उण्यात उणे तापमान 24.4 अंश सेल्सियस इतले नोंद जाला.

आणि इतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे, मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले आयज सांजे ७ जावन २० मिनटांचेर, नमस्कार